# मध्य आशियाई युवा प्रतिनिधी मंडळान राज्यपालांची भेट घेतली

ता. 25 मार्च 2025

गोंयच्या तीन दिसांच्या भेटेर आयिल्ल्या मध्य आशियाई युवा शिश्टमंडळान राज्यपाल श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची राजभवना वयल्या पोरण्या दरबार हॉलात काल भेट घेतली. ह्या वेळार राज्यपालान शिश्टमंडळाच्या वांगड्यांकडेन संवाद साधलो. भारत आनी मध्य आशियाई राष्ट्रांमदी युवा सहकार्य, सांस्कृतिक देवाणघेवाण आनी राजनैतिक संबंध मजबूत करप हो ह्या भेटीचो उद्देश आसा.

ह्या वेळार गोंयचे कला-संस्कृती आनी खेळामंत्री श्री गोविंद गावडे, राज्यपालांचे सचिव श्री एम आर एम राव आनी भारत सरकारच्या युवा वेव्हार आनी खेळा मंत्रालयाच्यो अवर सचिव मंजुळा जुनेजा हेवूय उपस्थित आशिल्ल्यो.

प्रतिनिधीं मंडळाकडेन संवाद साधताना राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी समृद्ध संस्कृती, इतिहास आनी जगाक दिल्ल्य योगदाना खातीर भारताची लोकप्रियता वाडिल्ली आसा. भारत देशांत हेर धर्माच्या लोकांक सदाच येवकार आसता, अशें तांणी सांगलें.

युवा देवाणघेवाण कार्यक्रमांक लागून आशियाई देशांवांगडा प्रादेशीक शांतीकाय, इश्टागत आनी आर्थिक भागीदारीच्या बाबतीत भारताची वचनबद्धता मजबूत जाता, अशेंय राज्यपालान म्हणलें.

खेळा मंत्री श्री गोविंद गावडे हांणी शिश्टमंडळाची ही भेट फुडारांत सहकार्य, सांस्कृतीक समज, नेतृत्व विकास आनी म्हत्वाच्या क्षेत्रांनी आंतरराष्ट्रीय सहकार्याक चालना दिवपाक म्हत्वाची थारतली अशें सांगलें. कला आनी संस्कृतीच्या दिवप घेवप उपक्रमांतल्यान मानवी विविधतायेत सोशीकसाण आनी समजीकायेक उर्बा मेळटा, अशेंय तांणी सांगलें.

शिश्टमंडळात कझाकस्तान, ताजिकिस्तान, किर्गिस्तान, उझबेकिस्तान, तुर्कमेनिस्तान ह्या देशांतल्या शंभर वांगड्यांचो आस्पाव आशिल्लो. मध्य आशियाई देश आनी भारतातल्या युवकांमदी अदीक परस्पर समजीकाय वाडोवप हो ह्या भेटीचो उद्देश आसा.

राज्यपालांचे सचीव श्री. एम.आर. एम. राव हांणी येवकाराच्या उलोवपात राजभवनाच्या साबार उपक्रमांची माहिती दिली.

ह्या वेळार प्रत्येक देशाच्या प्रतिनिधीन तांचो अणभव आनी अपेक्षा सांगल्यो.

भारत सरकारच्या युवा वेव्हार आनी खेळा मंत्रालयाच्यो अवर सचिव मंजुळा जुनेजा हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/276

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.